**वळखपत्र नाशिल्लें भारतीय नागरिक आनी नेपाळी नागरिकांखातीर फोंडे हांगा फाल्या लसीकरण सत्र**

ता. 23 जुलय 2021

भलायकी सेवा संचालनालयान सूचीत वळखपत्र नाशिल्लें भारतीय नागरिक आनी भारतात रावपी नेपाळी नागरिकांखातीर फाल्या ता. 24 जुलय 2021 दिसा सकाळी 9.00 ते सांजेची 5.00 मेरेन फोंडेच्या नगरपालिका हॉलांत खास कोवीड लसीकरण सत्र आयोजीत केला.

फोंडे म्हालात रावपी नेपाळी नागरिक आनी वळखपत्र नाशिल्ल्या भारतीय नागरिकांनी लसीकरण केंद्राचेर भेट दिवन वासीन घेवचे.

फोंडेचे मामलेदार श्री. राजेश साखळकर (9822181954) हे लसीकरण सत्राचे नोडल अधिकारी आसात. फोंडेच्या मुळाव्या भलायकी केंद्राच्यो भलायकी अधिकारी डॉ. स्मिता पार्सेकर, कोवीड लसीकरण नोडल अधिकारी डॉ. आयरा आल्मेदा, उपजिल्हाधिकारी श्री. प्रदीप नाईक हांच्या देखरेखीखाला हे लसीकरण सत्र जातले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/616

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji